# दुकरांक भौशिक जाग्यार न सोडपाचो आदेश

ता. 27 जुलय 2018
5 आषाढ 1940

मुरगांव नगरपालिका मंडळान दुकर पोसपी मालकांक आपल्या दुकरांक नगरपालिका वाठारातल्या भौशिक जाग्याचेर न सोडपाचो आदेश दिला. नगरपालिका वाठारातल्या रस्त्यांचेर आनी भाौशिक जाग्यांचेर दुकरा भोवता आशिल्ल्यान अपघात घडतात आनी लोकांक उपद्रव जाता.

दुकरा रस्त्यार आनी भौशिक जाग्याचेर भोवताना सापडल्यार तांका धरपाक श्री. रॉक परेरा हांका नगरपालिका मंडळान नेमला. धरिल्या दुकरांचेर मालकांक दावो करपा मेळचो ना.